**<u>प्रस्नमंजूशा सर्तीत सांखळीचे सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालय जैतवंत</u>**

ता. 23 फेब्रुवारी 2022

छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती निमतान राज्य सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान फर्मागुडी-फोंडा हांगा छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या जीणेचेर आयोजीत आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्तीत सांखळीच्या सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालयाच्या अभिषेक गाडगीळ आनी श्रेयश गांवकर हांका पयले इनाम फावो जाले.

सर्तीचे दुसरे इनाम पर्वरीच्या विद्याप्रबोधीनी महाविद्यालयाच्या कु. प्रिती परब आनी कु. तनया रावळ हांका जाल्यार तीसरे इनाम गोंय विद्यापीठाच्या कु. सेरा गोयस आनी ललीता कुमारी हांका फावो जाले. व्ही. एम. साळगांवकर कायदो महाविद्यालय, मिरामार आनी स्वामी ब्रम्हानंद महाविद्यालय, तपोभुमी कुंडय हांच्या पंगडाक उमेद वाडोवपी इनाम फावो जाले.

जैतवंत पंगडांक अनुक्रमे रोख 7500/- रूपया, 5,000/- रूपया आनी 3,000/- रूपयांचे इनाम भेटयले.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर, म्हायती अधिकारी श्री. प्रकाश नाईक, शांतो नाईक हांचे हस्तुकीं सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयली

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/134

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji